Date : 10/05/2026 राष्ट्रीय खबरो 6.30 PM

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी आयज बेंगळुरूत आर्ट ऑफ लिव्हिंग च्या 45व्या वर्साच्या उत्सवा वेळार नव्यान बांदिल्ल्या ध्यान मंदिराचे उक्तावण केलें. तशेच सेवा, अध्यात्म आनी समाजीक बदलांत आर्ट ऑफ लिविंग फावंडेशनाची तोखणाय केली. पर्यावरणीय जापसालदारकेची भावना, तरणाट्यां खातीर रोजगार आनी भितरली शुध्दताय आशिल्लो विकसीत भारत उबारपा खातीर सगळयांनी एकठांय येवपाचो उलो तांणी हयावेलार मारलो. योग, ध्यान आनी प्राणायाम हो आमच्या आध्यात्मिक दायजाचो एक भाग अशें प्रधानमंत्री हांणी सांगलें. जेन्ना समाजाक राश्ट्रीय ध्येयां कडेन आपली जापसालदारकी कळटा आनी तीं पुराय करपाक सक्रीय जाता तेन्नाच विकसीत भारताचें ध्येय साकार जावंक शकता अशें प्रधानमंत्रांनी सांगलें.

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज तेलंगणात सुमार 9,400 कोटी रुपया मोलाच्या जायत्या मुळाव्या साधनसुविधा आनी उद्देगीक प्रकल्पांचें उक्तावण आनी बुन्याद घाली. जोडणी घटमूट करप, रसद कार्यक्षमताय वाडोवप, सुरक्षीतताय वाडोवप आनी लोकांक बरो प्रवास-अणभव दिवप हो ह्या प्रकल्पांचो एकत्रीत हेत आसा. ह्या कार्यक्रमाक तेलंगणाचे राज्यपाल शिव प्रताप शुक्ला, मुख्यमंत्री ए.रेवंत रेड्डी, केंद्रीय मंत्री जी.किशन रेड्डी आनी हेर वरिश्ठ फुडारी हाजीर आशिल्ले. तशेंच हैदराबाद-पणजे अर्थीक मार्गाच्या भाग म्हणून गुडेबेलूर आनी महबूबनगर हांचे मदीं राष्ट्रीय म्हामार्ग-167 च्या चार लेनिंगाची बुन्याद फातर बसयलो .

- तमिळगा वेत्री कळघम (टीव्हीके) पक्षाचे मुखेली सी. जोसेफ विजय हांणी आयज सकाळीं तमिळनाडूंच्या मुखेलमंत्री पदाचो सोपूत घेतलो. राज्यपाल राजेंद्र आर्लेकार हांणी तांकां पद आनी गोपनीयतायेचो सोपूत दिलो. तांच्या वांगडाच नऊ मंत्र्यांनी लेगीत सोपूत घेतली. सोपूतविधी सुवाळयाक लोकसभेंतचे विरोधी पक्ष फुडारी राहुल गांधी आनी तमिळ फिल्म उद्देगांतले जायते नामनेचे व्यक्ती हाजीर आशिल्ले. मजगती प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सी. जोसेफ विजय हांका तमिळनाडूचो मुख्यमंत्री जाल्ल्यान परबीं दिली. केंद्र सरकार तमिळनाडू सरकारा वांगडा मेळून लोकांचो जिणेचो दर्जो सुदारतले अशें सोशल मिडिया पोस्टांवरवी ताणी सांगलां.

- अमृत पर्व निमतान गुजरातांतल्या सोमनाथ देवळांत खोशी आनी उमेदीचें वातावरण आसा. शिवा संबंदीत १२ ज्योतिर्लिंगा हि श्रध्दा आनी भक्तीचे खाशेले केंद्र आसून तातूंत सोमनाथ हे पयले . अमृत पर्वाच्या निमतान नव्यान बंदिल्ल्या सोमनाथ देवळाच्या कळसाचेर 11 तीर्थस्थळांच्या उदकाचो अभिषेक जातलो. फाल्यां प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या हाजिरेंत ध्वजपूजा आनी महापूजा जातली.

- उत्तर प्रदेशाचे मुख्यमंत्री योगी आदित्यनाथ हांणी आयज आपले मंत्रीमंडळाचो विस्तार केलो. भारतीय जनता पक्षाच्या स फुडाऱ्यांनी मंत्री म्हूण सोपूत घेतलो. तेभायर दोन राज्यमंत्र्यांक

स्वतंत्र प्रभारी राज्यमंत्री पदाचेर पदोन्नती मेळ्ळी. लखनौच्या जन भवनांत जाल्ल्या सुवाळयांत राज्यपाल आनंदीबेन पटेल हांणी ह्या मंत्र्यांक पद आनी गोपनीयतायेचो सोपूत दिलो.

- भारतीय जनता पक्षाचे वरिष्ठ फुडारी डॉ. हिमंता बिस्वा सरमा हांची भाजपा आनी एनडीए ह्या दोनूय विधीमंडळ पक्षांचे फुडारी म्हूण नेमणूक केली. आयज सकाळीं गुवाहाटींत जाल्ले बसकेंत रंजीत कुमार दास, बिस्वजित डेमरी, अजंता निओग, राजदीप रॉय, अशोक सिंघल आणि पिजुष हजारिका सयत आठ भाजपा आमदारांनी आसोम गण परिशद आनी बीपीएफचे धा आमदार हांच्या हाजिरेंत डॉ. हिमंता बिस्वा सरमा हानच्या नावाचो प्रस्ताव दवरलो. हाचे उपरांत भाजपाचो केंद्रीय निरिक्षक जगत प्रकाश नड्डा हांणी एनडीएचो फुडारी म्हूण डॉ. हिमंत बिस्वा सरमा हांका भाजपा आनी एनडीए ह्या दोनूय पक्षांचो फुडारी म्हूण जाहीर केलो. एनडीएचो फुडारी म्हणून वेंचून आयले उपरांत श्री सरमान लोकभवनांत राज्यपाल लक्ष्मण प्रसाद आचार्य हांकां मेळून सरकार घडोवपा खातीर 102 आमदारांच्या स्वाक्षरीचें पत्र सादर केलें.

- कळोवणी

  आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या प्रादेशिक खबरा विभागा वरवी 'खबरा वाचक तशेच अणकारक पदाखातीर कराराचेर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्यात. अर्ज करपाची निमणी तारीख 17 मे २०२६ आसा.

- हवामान

  गोंय हवामान खात्यान दिलल्या अदमासा प्रमाण राज्यांत 10 आनी 11 मे मेरेन उश्ण आनी दमट हवामान उरपाची शक्यताय आसा. उत्तर आनी दक्षिण गोंयांतल्या कांय सुवातींनी उश्णताय आसतली. तशेंच उत्तर आनी दक्षिण गोंयांतल्या कांय सुवातींनी गडगड, वीज आनी वराक 40 ते 50 किलोमीटर वेगान वारें येवपाची शक्यताय आसा अशें हवामान खात्यान सांगलां.

- खेळ 20

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत आयज सांजे7:30 वरांचेर रायपूरांत रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू आनी मुंबय इंडियन्स पंगडामदी खेळ जातलो

इतल्यान हयो राष्ट्रीय खबरो सोपल्या.

नमस्कार.